# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं

ता. 4 ऑक्टोबर 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दसरो म्हळयार विजयादशमीच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो/विजयादशमीच्या उत्सवान णव दिसांच्या नवरात्रां उत्सवाची सांगता जाता. प्रत्येक प्रातांत ह्या उत्सवाचो वेगवेगळो धार्मिक अर्थ आसलो तरी हो उत्सव बऱ्या गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण तीच भावना आसा. लोकांक एकठांय दवरपाक आनी देशाची एकता आनी अखंडताय राखपा खातीर अशां उत्सवांची भुमीका तोखणायेची आसा. आयज संवसार असहिष्णुताय, दुस्वास आनी हिंसात्मक वायट घडणूकांनी पिडिल्लो आसतना आमी सहिष्णूता, भावपण आनी शांतीकायेच्या मुल्यांप्रती कटीबद्द जावया.

ह्या वर्सा दसऱ्याचो उत्सव गोंयच्या लोकांक चड शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/608

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji